वि . वि . म
रामकृष्ण महादेव साळगांवकर उच्च माध्यमिक विदयालय
कोंब मडगांव गोंय

PRELIMINARY EXAMINATION JANUARY 2024

यत्ताःबारावी | विशयः कोंकणी | वेळः ३ वरां
तारीखः १९.०१.२०२४ | | गूणः ८०

---

सुचवण्योः

१.दरेका प्रस्नाची जाप नव्यां पानार सुरु करची .
२. प्रस्नाचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.
३. सगळे प्रस्न सक्तीचे आसात .
४. उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे प्रस्नांचे वट्ट गूण थरचे.
५. प्रस्न क्रमांक ६,७,८,९,१०,११,१५ आनी२७ हया प्रस्नांक अंतर्गत पर्याय आसात.

---

## विभाग 'अ' (गद्य आनी पद्य)

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो एका वाक्यांत बरयात .

प्र.१. जिणेंत यशस्वी जावपाक खंयच्यो तीन गजाली जाय ? (०१)
प्र.२. लाडूमामा लेखकागेर केन्ना येतालो? (०१)

सकयल दिल्ल्या रित्या सुवातिनी कंवसांत दिल्ले योग्य पर्याय वापरून कवितेच्यो वळी पुराय करात.

प्र.३. -------- पांयजणां (२)
वाजता सुरान --------.
(मांडवी,जुवारी,सांगातान,एकतान)

प्र.४.-------- हळडुळे त्या पातारा (२)
-------- चिटट्यो काजू पारा .
(भोवरा,वास,गंध,पाखरू)

प्र.५. सकयल दिल्ल्यो जोडयो जुळोवन परथून बरयात :

| क | ख | |
|---|---|---|
| अ.सैमाकडेन इश्टागत | श्रीमती मीना सु. काकोडकर | (०१) |
| आ.अठरा जून | श्री. दामोदर मावजो | (०१) |
| इ.दोंगर चंवल्ला | श्री.भूषण भावे | (०१) |
| | श्री. रवींद्र केळेकार | |

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो पाच ते स वाक्यांनी बरयातः (६)

प्र.६. 'हाड चेडवा बुडकुलो' कवितेंतलो मोगी लग्नाच्या संबंदान सैमाचेर आपले सोयरे धायरे, इश्टसांगाती म्हूण कसो भरवसो दाखयता ? (३)

वा

होळये पुनव/ परब मनशांनदी उर्बा कशी जागयता?

प्र.७. झाडांची मुळां आनी मनशाची मुळां हांचें नातें कवीन कशें तरेन सुचीत केलां? (३)

वा

घर आनी फ्लॅट हांचेमदलो प्राकृतीक तसो सांस्कृतिक फरक कवियत्रेन खंयच्या उतारांनी दाखयला ?

सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो स ते सात वाक्यांनी बरयातः

प्र.८ भुरगी आनी डॉ.अब्दुल कलाम हांचें नातें कशें आसा ? (४)

वा

शिक्षकाक देवाचो मान कित्याक फावो जाता ?

९. युध्दाच्या अनर्थाचे वर्णन कृष्ण खंयच्या उतारांनी करता? (४)

वा

गोंयकार जगाभायले न्हय तांकांय उसळू येता. . .अशें लोहियांनी केन्ना आनी कित्याक म्हणलें?

सकयल दिल्ल्या पद्यांशांचे संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात. (४)

१०. म्हज्या घराकुशीक शेजारी
माया ममतेचे पुजारी
उल्याक धांवप
गरजेक पावप

वा

त्राप ताप भोंवतणीचे
पुंजावन उज्यांत हुल्पावचे
संवसाराच्यो पीडा नडी जावच्यो भस्मसात ॥२॥

सकयल दिल्ल्या विधानांचे संदर्भासयत स्पश्टीकरण करात. (५)

११. 'पोराक मातशे सांबाळून व्हरून हाडात रे.मातसो सादो तो.'

वा

'खरें सांग,समज हांव आयिल्लों मुंबय,कॅन्सर बरो जातलो आशिल्लो?

## विभाग 'ब' (व्याकरण)

सकयल दिल्ली वाक्यां कंवसांत सुचयल्ले प्रमाण बदलुन बरयात.

१२. किटीक पांखां फुटटली? ( न्हयकारी करात) (१)

१३. आई मदल्या मामाल्या(पांय) कितें जाल्लें गे?(कंसांत दिल्ल्या उतराक फावो तो विभक्ती प्रत्यय लायात) (१)

१४. फाल्यांच्यान तूं वतलो मरे शाळेंत? ( आज्ञार्थी करात) (१)

१५. तेन्ना आमी नुस्ते गरयताले.(भविश्यकाळांत करात) (१)

वा

अशें कोणे तरी येवन कोमान्दान्तीक सांगलें . ( प्रस्नार्थी करात )

सकयल दिल्ल्या वाक्यांत आडी मारिल्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंवसांत दिल्ल्या योग्य त्या वाकप्रचारांचो वापर करून विधानां परतून बरयात.

१६. आपलो इश्ट गांव सोडून वता तें पळोवन प्रकाशाक रडूंक आयलें . (१)

१७. पोरणी आयदनां फुटल्यांत म्हणून आवयन तीं आयदनां कुशीक काडून दवरलीं. (१)

( ओग भायर काडप, दोळे भरून येवप, कावलाक काडप, जिवाक गोळ लागप )

सकयल दिल्ल्या उतरांची उरफाटया अर्थाची उतरां बरयात.

१८. शिस्त (१)

१९. नापीक (१)

सकयल दिल्ल्या उतरांची विशेशणां करात.

२०. निती (१)

२१. त्याग (१)

सकयल दिल्ल्या उतरांची भावनामां करात.

२२.जापसालदार (१)

२३. खड (१)

२४. प्रसन्न (१)

सकयल दिल्ल्या ओपारीचो अर्थ बरयात.

२५. आंवाळो दिवन कुंवाळो काडप. (१)

२६. सदांच मरता ताका कोण रडटा? (१)

२७. गरज जाली,वैज मेलो. (१)

वा

बोट दिल्यार हात गिळटा

सकयल कंवसांत दिल्ल्या क्रियापदांचे फावो तें रुप रित्या सुवातीनी घालून ओळी पुराय करुन बरयात. (४)

प्र.२८. हे सगळे जापेक ........ आनी कितें उलोवचें तें समजना जावन वग्गी....... हे मोने खीण सागके खावपाक ...... मागीर हांवच कितेंय प्रस्न विचारून मीनाक वाचा ......

( येवप, बसप, वचप,येवप, फोडप ).

प्र.२९. 'शिक्षणाचें म्हत्व' हया विशयाचेर तुमी तुमच्या इश्ट इश्टिणी वांगडा केल्लो संवाद सुमार १० ते १२ वाक्यांनी बरयात. (५)

प्र.३०. " तुमच्या रोझरी उच्च माध्यमिक विद्यालयांत आयोजित केल्ल्या 'नाच सर्त' हे कार्यावळीची आमंत्रण पत्रिका / आपवणें तयार करात. (५)

सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे सकयल विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात.

धीट मनशाक सूख आनी दुख्ख दोनूय सारकीं.पूण सूख दुख्खाक समान लेखपी मनीस येसा अपेसाक सारकें लेखता व्हय?अपेस आयल्यार तो सोंसता जावयै.पूण प्रपंचांत येस जोडपाकूच वावरतलो अपेसाक ईश्वराची कृपा मानपी मनीस सोदूनूय मेळपाचो ना. खरें म्हळयार सुख आनी दुख्ख हांका आसा तितलीच येस आनी अपेस हांकाय जिवितांत सुवात आसकूं जाय. येस म्हळयार ईश्वराची कृपा आनी अपेस म्हळयार अवकृपा हो समज सारको न्हय.ईश्वराचो न्याय उरफाटो! ताका जो जाय तो केन्ना केन्ना अपेसाच्या उज्याक सारको भाजून काडटा आनी ताका जो नाका ताका तो केन्ना केन्ना येसाचे मोहिनींत बुडोवन दवरता.एकसारकेंअपेसूच मेळत जाल्यार मनीस खचतलो तशेंच एकसारकें येसूय मेळत रावलें जाल्यार जिवीत अळणी आनी दुबळें जातलें.येसाअपेसाचें प्रमाण जिवितांत सारकें आसूंक जाय.

प्रस्न:

३१. 'खार' हया उतराक उताऱ्यांत खंयचे उरफाटे उतर आयल्या? (१)

३२. ईश्वराचो न्याय उरफाटो कसो? (१)

३३. कसलो मनीस सोदूनूय मेळपाचो ना? (१)

३४. जिवीत अळणी आनी दुबळें केन्ना जाता? (१)

३५. उताऱ्याक फावो सारको माथाळो दियात . (१)

३६. सकयल दिल्ली जायरात वाचून समीर/समीरा देसाय, घर नं.१०० ,आकें, मडगांव, गोंय साकून सकयल दिल्ल्या पदाखातीर अर्ज करता अशें समजून सकयल बरयात. (५)

| गरज आसा |
|---|
| संगणक शिक्षक (Computer Teacher)<br><br>शिक्षणीक पात्रताय: बारावी पास<br>संगणकाचो दाखलो आसप गरजेचें<br>कोंकणी भाशेचें गिन्यान गरजेचें<br><br>अणभव : उण्यांत उणी दोन वर्सां<br><br>पुराय म्हायती सयत अर्ज करात<br><br>संपर्क:वेवस्थापक<br><br>रोझरी उच्च माध्यमिक विद्यालय<br><br>मडगांव, गोंय. |

प्र.३७ सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर सुमार २५० उतरांनी निबंद बरयात. (८)

अ. एका झाडाची आपजीण

आ. मनीस आनी मनीसपण

इ. म्हजी बसीची भोंवडी

ई. पयशे नाशिल्ले जाल्यार

************************************************************************